तेमवाड्या वयल्या 23 बांदकामांचेर घण

सीआरझॅड नेम मोडिल्ले खातीर मोरजे कारवाय, थळाव्या मदीं तिडकीचें ल्हार

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पेडणें : मोरजी दर्यादेगे वयल्या तेमवाडो वाठारांत सीआरझॅड (कोस्टल रेग्युलेशन झोन) नेम मोडून बांदिल्ल्या वट्ट 23 पक्कया बांदकामांचेर आयतारा सरकारी यंत्रणेन मोडपाची कारवाय सुरू केली. उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण सुरू जाल्ले हे कारवायेक लागून मोरजी वाठारांत खवदळ पडल्या. थळाव्या लोकां मदीं खर तिडकीचें ल्हार पातळ्ळो.

तेमवाड्या वयल्या सर्वे नं. 116/3 आनी 166/35 तळीं वट्ट 23 बांदकामां काडपाचे आदेश उच्च न्यायालयान दिल्ले. ते प्रमाण महसूल, पुलीस, सीआरझॅड आनी संबंदीत विभागांचे उपस्थितींत ही कारवाय सुरू केल्या.

थळाव्यांच्या म्हणण्या प्रमाण, खूबश्यो पिळ्ळ्यो ह्या वाठारांत रावतात. त्या भुंयतूंत नुस्तेमारांची घरां आनी वेवसायीक बांदकामां मोडतात. दर्यादेग वाठारांत बिगर गोंयकारांनी बांदिल्ल्या खूबश्या बांदकामांचेर अजून कारवाय जावंक नाशिल्ल्या प्रशासन दोट्टी निकशा लायता, अशी भावना थळाव्या लोकां मदीं निर्माण जाल्या.

ह्या प्रकरणाची सुरवात जमीन धनी अनिल प्रभाकर नायक हांणी केल्ले कागाळे परांत सुरू जाल्ली.

फातरावो दुरीग मोडटना बुलडोझर, दुसऱ्या फोटवांत अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा करतना ॲड. प्रसाद शहापूरकार. (निवृत्ती शिरोडकर)

तांणी सर्वे नं. 116/3 आनी 166/35 तल्या सुमार 10 धनयांनी सीआरझॅड नेम मोडून तशेंच जमीन धनयाचो रगजेचो नाहरकत दाखलो घे नासतना बांदकामां उबारल्यांत अशी कागाळ सीआरझॅड प्राधिकरणा कडेन दाखल केल्ली.

हे कागाळे उपरांत प्रकरण सीआरझॅड प्राधिकरण, हरीत लवाद, उच्च न्यायालय आनी सर्वोच्च न्यायालया मेरेन गेलें. निमाणे उच्च न्यायालयान संबंदीत सगलीं 23 बांदकामां काडपाचे आदेश दिल्यात. ताची अंमलबजावणी सुरू जाल्या.

मजगर्ती, थळावे दिलीप मोरजे हांच्या प्रकरणाची लेगीत विशेश चर्चा आसा. तांच्या मूळ 90 चौखण मिटर क्षेत्रफळाच्या घराची दुरुस्ती आनी पुनर्बांदणी खातीर सीआरझॅडची परवानगी घेतिल्ली. मात परवानगेच्यो अटी मोडून राबितो घराचें वेवसायीक हॉटेलांत रुपांतर केल्ल्याचो आरोप केला. हे संबंदींत जमीनधनी अनिल नायक हांणी कागाळ दाखल केले उपरांत संबंदीत विस्तारीत बांदकामा सयत ती माळ्यांची इमारत मोडपाची कारवाय सुरू केल्या.

जमीनधनी अनिल नायक हांणी दिलीप मोरजे, कृष्णा रघुवीर पेडणेंकार, चंद्रकांत हळदणकार, सद्गुरू हळणकार, मोहन पांडुरंग हळणकार, तुकाराम गांवकार, कालिदास गांवकार, त्रिविक्रम मोरजे, सद्गुरू पेडणेंकार आनी श्रीधर मोरजे ह्या 10 जाणां आड सीआरझॅड नेम मोडून बांदकामां केल्ल्याची कागाळ संबंदीत विभागा कडेन दाखल केल्ली. हे कागाळीची सुनावणी विवीध पांवडकांचेर जाले उपरांत उच्च न्यायालयान संबंदीत 10 जाणांनी बांदिल्ल्या वट्ट 23 बांदकामां मोडपाची कारवाय करपाचे आदेश दिले. ते प्रमाण सरकारी यंत्रणेन प्रत्यक्ष कारवायेक सुरवात केल्या.

मजगर्ती, कारवाये वेळार प्रतिक्रिया दितना मोरजे हिणें सांगलें, आमचें मूळ पुर्वजांचें घर सुमार 90 चौखण मिटरांत बांदिल्लें. त्या घराची दुरुस्ती आनी पुनर्बांदणी खातीर आमी रगजेच्यो सगल्यो शासकीय परवानग्यो तशेंच सीआरझॅड विभागाचो नाहरकत दाखलो घेतिल्ले. तरी लेगीत आमचें घर मोडतात. आमच्या 90 चोखण मिटरांच्या मूळ घराक राखण दिवन आमकां न्याय दिवचो, अशी तिणें थळाव्या प्रत्रकारां कडेन उलयतना मागणी केली.

आयताश सकाळीं पेडणें मामलेदार कार्यालय, भौशीक बांदकाम खातें, वीज विभाग, सीआरझॅड विभाग तशेंच पुलीस प्रशासनाचे उपस्थितींत मोडपाची कारवाय सुरू केल्या. कारवायेची सुरवात दिलीप मोरजे हांच्या बांदकामा पसून केली. सगल्यांत पयलीं ताचे मालकीची फातरांची दुरीग आनी स्विमींग पूल मोडलो. ते उपरांत क्लब आनी राबितो घराचेर कारवाय सुरू केली.

मोरजेच्या तेमवाडो वाठारांत सीआरझॅड प्रकरणांत बांदकामां मोडपाचे फाटभुंरेर घडिल्ल्या मारपेट आनी गाडयेची मोडतोड प्रकरणाक आतां नवें मोडण मेळ्ळ्यें. वकिलाचेर जाल्ल्या हल्लो प्रकरणांत गुन्यांव दाखल जाले उपरांत दुसरे वटेन जखमी जाल्ले चलयेन संबंदींत वकिला आड गाडी आंगार घालून जिवेशी मारपाचो यत्न केल्ल्याची कागाळ मांद्रें पुलिशेंत दाखल केल्या.

मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, 17 जुलयाक तेमवाडो वाठारांतल्या बांदकामां मोडपाची कारवाय जातली अशी म्हायती मेळिल्ल्यान थळावे नुस्तेकार आनी थळाव्या लोक आपल्या घराच्या वाठारांत व्हड संख्येन जमिल्ले. त्या वेळार जमीनधनी अनिल नायक आनी ताचो वकील घडणुकेचे सुवातेर पावलो.

प्रत्यक्षदर्शीन दिल्ले म्हायती प्रमाण, वकील गाडी घेवन फुडें येतना ताचे मुखार ताका व्हड गर्दी दिसली. हे खातीर ताणें गाडी फाटल्यान व्हरपाचो यत्न केलो. त्या वेळार गाडी एका फातराच्या दुरगाक आपटली. ते उपरांत दिलीप मोरजे हाची धूव जखमी जाल्ल्याचो आरोप केलो. हे घडणुके उपरांत खुबळिल्ल्या जमावान वकिलाक मारपेट केलो आनी ताचे गाडयेची मोडतोड केली.

ह्या प्रकरणांत मांद्रें पुलिसांनी दिलीप मोरजे, ध्रुव मोरजे हांका अटक केल्या. तांचे सयत वट्ट 12 जाणां आड गुन्यांव दाखल केला.

मोरजी हल्ल्या संबंदांत न्यायालयाची स्वेच्छा दखल

पणजी : गोंयांतल्या उच्च मुंबय न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण मोरजेच्या तेमवाडो वाठारांतलीं दर्यादेग नियमन क्षेत्र (सीआरझॅड) नेम मोडून बांदिल्ल्या 23 बांदकामांचेर कारवाय करपाक खातीर गेल्लो ॲड. अंकूर कुमार हांचेर जिवघेणी हल्लो केलो. हे घडणुकेची गंभीर दखल घेवन उच्च न्यायालयान स्वेच्छा दखल घेवपाचे संकेत दिवन, थळाव्या पुलीस कार्यपद्धतीचेर खर नाराजी उक्तायली. न्यायालयान ह्या प्रकरणाचो तपास अधिक्षकांचे थेट देखरेखी काला हेर पुलीस निरिक्षकां कडेन दिवचो, असो आदेश उत्तर गोंय पुलीस अधिक्षकाक दिला. ते भायर बेकायदो बांदकामां मोडपाचे कारवाये कडेन संबंदीत आशिल्ले यंत्रणेच्या अधिकाऱ्यांक स्वतंत्र प्रतिज्ञापत्र सादर करपाचे निर्देश न्या. वाल्मिकी मिनिझीस आनी न्या. हितेन वेनेगावकर हांच्या दोन वांगड्यांच्या न्यायपिठान दिला.

ह्या प्रकरणांत अनिल प्रभाकर नायक हांणी उच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केली. गोंय दर्यादेग क्षेत्र वेवस्थापन प्राधिकरणान (जीसीझॅडएमए) मोरजेचीं बेकायदो बांदकामां मोडपाचे आदेश दिलेले. ते प्रमाण, उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण 17 जुलयाक सकाळीं 11 वरांच्या सुमारांक मोरजे बांदकामां मोडपाची कारवाय चालूआशिल्ली. त्या वेळार पेडणेंचे मामलेदार, मोरजीचे तलाठी आनी जीसीझॅडएमएचे सर्वेक्षक थंय उपस्थीत आशिल्ले.

हे मजगर्ती, याचिका करप्याचे वकील अंकूर कुमार आनी याचिकादाराचेर अचकीत हल्लो केलो आनी शासकीय कामांत आडखळ हाडली. ह्या हल्ल्यांत वकिलाच्या उजव्या दोळ्याक आनी हाताक गंभीर दुखापत जाली. दोळ्याचें हाड मोडला आनी ताचेर खाजगी हॉस्पिटलांत उपचार चालू आसात.

ह्या प्रकरणांत सोमार 20 जुलयाक न्यायालयान गंभीर दखल घेतली. ह्या प्रकरणांत न्यायालयांत सुनावणी जाली तेन्ना, मोडपाचे कारवाये खातीर पुलीस संरक्षण दिवपाचो न्यायालयाचो आदेश 10 जुलयाकूच उत्तर गोंयच्या पुलीस अधिक्षकाक धाडिल्लो. ते परांत 13 जुलयाक तो पेडणेंच्या उपविभागीय पुलीस अधिकाऱ्याक कडेन वर्ग केलो. अशें आसून लेगीत, हो आदेश मांद्रें पुलीस स्टेशनार 17 जुलयाक सांजेच्या 4.45 वरांचे म्हणण्यार हल्लो जाले उपरांत पावलो, हाचेर न्यायालयान खर अजाण उक्तावन खंत उक्तायली. ही पुलिसांची घाळपणां आसात. ह्या कळावाची खोसायेन चवकशी करतले. अशें न्यायालयान स्पष्ट केलें. तशेंच उत्तर गोंय पुलीस अधिक्षकान ह्या प्रकरणाचो तपास मांद्रें पुलिसां कडल्यान काढून घेवन ताचे थेट देखरेखी खाला हेर पुलीस निरिक्षका कडेन दिवचो, असो निर्देश जारी केला. उरलिलीं बेकायदो बांदकामां खर पुलीस बंदोबस्तांत मोडपाचे आनी ताचो प्रगती अहवास फोटवां सयत सादर करपाचे निर्देश न्यायालयान दिवन फुडली सुनावणी 21 जुलयाक दनपारां दवरल्या.

1 जूना सावन काल मेरेन 39.40 इंच पावस

■ भांगरभूंय . प्रतिनिधी

पणजी : गोंयांत सोमारा मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची नोंद जाली. कांय कडेन मदीं मदीं पावसाच्यो दडको पडल्यो. 24 वर्सांत गोंयांत सरासरी 0.65 इंच पावसाची नोंद जाली. 1 जून ते 20 जुलय ह्या काळांत गोंयांत 39.40 इंच पावस पडला. अंदूं पावसाचें प्रमाण 36.8 टक्क्यांनी उणें आसा. फुडले स दीस गोंयांत मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

पावसाक लागून गोंयांतलें चडांत चड आनी उण्यांत उणें तापमान देंवलां. सोमारा पणजे चडांत चड 30.8 अंश जाल्यार उण्यांत उणें 27 अंश सेल्सियस तापमानाची नोंद जाली. मुरगांवचें चडांत चड तापमान 32.4 अंश जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 25.8 अंश सेल्सियस आशिल्लें. 26 जुलय मेरेन गोंयांतलें उण्यांत उणें तापमान 26 ते 27 आनी चडांत चड तापमान 31 ते 32 अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा.

गोंयांत 1 जून ते 20 जुलय ह्या काळांत काणकोण केंद्रांत सगल्यांत चड 52.13 इंच पावसाची नोंद जाली. धारबांदोड्यां 49.77 इंच, सांग्यार 50.80 इंच, वाळपय 43.42 इंच, केप्यां 44.12 इंच पावसाची नोंद जाल्या. पावसाक लागून गोंयांतल्या धरणांतलें उदक वाडटा. 20 जुलय मेरेन साळावली धरणांत 69 टक्के, गवाणें धरणांत 79 टक्के, आमठाणें धरणांत 68 टक्के, चापोली धरणांत 55 टक्के, पंचवाडीत 54 टक्के जाल्यार अंजुणें धरणांत 37 टक्के उदक आशिल्लें.

दोन प्रकल्पां खातीर गोंयाक केंद्राची 62.42 कोटींची मजत

केंद्रीय पर्यटन मंत्र्याची लोकसभेंत लेखी जाप,

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : गोंयांतल्या पर्यटन मुळाव्या सुविधांक घटसाण दिवपा खातीर, केंद्र सरकारान स्वदेश दर्शन 2.0 आनी प्रसाद येवजणे खाला 60.42 कोटी रुपयांचे प्रकल्प मंजूर केल्यात. पर्वरीचें खारीज, कोलवा दर्यादेगेर साधन सुविधा तयार करप आनी तेच वांगडा पोरणें गोंयचे नामनेचे 'बायझिलिका ऑफ बॉम जिझस' इगर्जेचें संवर्धन आनी रोशणायेचया कामाक आदार दिवप हो या प्रकल्पां फाटलो मुख्य उद्देश आसा.

लोकसभेंत लेखी प्रस्नाक जाप दितना केंद्रीय पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंह अहलावत हांणी ही म्हायती दिल्या.

स्वदेश दर्शन 2.0 येवजणे खाला, पर्यटन मंत्रालयान 20 ऑगस्ट 2024 ह्या दिसा 24.07 कोटी रुपया खर्च करून 'पोर्हरीम क्रीक एक्सपिरियन्स' प्रकल्पाक मान्यताय दिली, जांतूंतले 12.04 कोटी रुपया पयलींच मंजूर जाल्यात. ह्या प्रकल्पांत पर्यटक सुविधा केंद्र, नुस्तें गरोवपा खातीर डेक, जेवणा- खाणांचें गाडे, पर्यटकां खातीर सुविधा, ईव्ही चार्जींग सुविधा, तोडूा तळ्याची उदरगती वांगडा तोडूा, ऑब्रिना आनी पैठण वाठारांत खारिजां देगेर पासय मारपा खातीर प्रोमेनाद वांगडाच पर्यटकांक सोयीचें थारपी हेर सुविधांको आस्पाव आसा.

त्याच दिसा, केंद्र सरकारान 19.89 कोटीं रुपयांच्या खर्चाची 'कोलवा बीच एक्सपिरियन्स' प्रकल्पूय मंजूर केलो, जांतूंतले 9.95 कोटी रुपया मंजूर केल्यात. ह्या प्रकल्पा खाला पर्यटकां खातीर अरायव्हल प्लाझा, पार्कींग सुविधा, फेरिवाल्यां खातीर झोन, खरेदी बाजारपेठ, गेझेबोस, पर्यटक सुरक्षा कक्ष, सीसीटीव्ही देखरेख, सुचोवणी फलक, रस्त्या कुशीक फर्निचर आनी पर्यटकांचो दर्यादेगेचो अणभव सुदरावपा खातीर हेर सुविधा तयार करपाचें थारायलें.

ते भायर, प्रसाद येवजणे खाला, गोंयांतल्या सगल्यांत पवित्र दायज आनी तीर्थक्षेत्रां मदीं एक आशिल्ले 'बायझिलिका ऑफ बॉम जिझस' इगर्जेची उदरगत आनी रोशणाये खातीर केंद्र सरकारान 2024- 25 वर्सा खातीर 16.46 कोटी रुपया मंजूर केले. ह्या प्रकल्पा खातीर आतां मेरेन 5.27 कोटींचो निधी वापरला.

मंजूर जाल्ल्या ह्या प्रकल्पांक लागून पर्यटन मुळावी सुविधा घटमूट जावपाची, पर्यटकांच्या सुविधांनी सुटसुटीतपणा येवपाची, शाश्वत पर्यटनाक चालना मेळपाची आनी गोंयांतल्या दर्यादेगेंचें आनी दायज थळांचें आकर्शण वाडपाची आस्त आसा. हे प्रकल्प पूर्ण जाले उपरांत, पर्यटकांचो अणभव सुदारतलो आनी राज्याच्या पर्यटनाचेर आदारीत आशिल्ले अर्थवेवस्थेकूय हातभार लागतलो.

दवर्ले सोन्याचे नशेंत अपघात

दुबाविताक 18,500 रुपयांचो दंड

मडगांव : सोरो पियेवन परवानो नासतना आनी घाशपणान स्कुटर चलोवन एका चलून वचपी व्यक्तीक गंभीर जखमी केल्ल्या प्रकरणांत मडगांव प्रथमश्रेणी न्यायालयान दुबावीत नितेश किणेकर (35, रा. दवर्ली) हाका दोशी थारायलो. न्यायालयान दुबावितीक 18,500 रुपयांचो अर्थीक दंड दिलो. ही रक्कम पिडीत व्यक्तीक भरपाय म्हून दिवपाचो आदेश दिला.

दवर्ले रावपी नितेश किणेकर हाचे दुचाकीचो अपघात 17 ऑगस्ट 2022 ह्या दिसा रातच्या 8.40 वरांच्या सुमारांक दवर्लेच्या दोन खुरीस कपेला मुखा वयल्या इंदोना जंक्शनार जाल्लो. दुबावीत नितेश सोन्याचे नशेंत होंडा ॲक्टिव्हा घेवन पावर हावजाचे दिशेन वतालो. त्या वेळार रस्तो हुपपी जाफर गुंडर हाका दुचाकीचो धपको बसलो आनी तो जखमी जालो. मायणा कुडटरी पुलिसांनी ह्या प्रकरणांत गुन्यांव नोंद केली.

हो खटलो मडगांवचे प्रथमश्रेणी न्यायदंडाधिकारी सबिनो ब्रागांझा हांच्या न्यायालयांत चलतालो. सुनावणे वेळार दुबावितान गुन्यांव मान्य केलो. दुबावितान गुन्यांव मान्य केल्ल्यान न्यायालयान बंदखणी बदला दंडाची ख्यास्त फर्मायली. दंडाची रक्कम भरली ना जाल्यार दोका गुन्यांवा खातीर अतिरिक्त साद्या बंदखणीची तजनीज आदेशांत केल्या. ही दंडाची रक्कम जखमी जाफर गुंडर हाका लुकसाण भरपाय म्हून दिवची, अशें आदेशांत नमूद केलां.

दुचाकी चोरी प्रकरणांत तडजोड, दुबाविताची सुटका

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

मडगांव : दुचाकी चोरी प्रकरणांत कागाळदार आनी दुबावीत हांचे मदीं आपापसांत तडजोड जाल्ल्यान मडगांव प्रथमश्रेणी न्यायालयान दुबाविताची निर्देशा सुटका केली.

मडगांव पुलिसांनी दाखल केल्ल्या चोरीच्या गुन्यांवांत दुबावीत प्रवीण गिरमल (36, रा. कोल्हापूर, महाराष्ट्र) हाका न्यायालयीन कोठडेंतल्यान तत्काळ सोडपाचे आदेश दिले. मार्च 2026 त कोंकण रेल्वे पुलीस स्टेशना कडल्यान कागाळदार अरविंद गांवकार हाची हिरो होंडा स्प्लेंडर मोटरसायकल चोरयेक गेल्ली. ह्या प्रकरणांत मडगांव पुलिसांनी गुन्यांव नोंद करून आरोपपत्र दाखल केल्लें.

हो खटलो मडगांवच्या प्रथमश्रेणी न्यायदंडाधिकारी सबिनो ब्रागांझा हांच्या न्यायालयांत चालू आशिल्लो. सुनावणे वेळार कागाळदार अरविंद गांवकार हाणें न्यायालयांत अर्ज सादर करून, चोरयेक गेल्ली मोटरसायकल परतून मेळिल्ल्याचें सांगलें. ताका लागून ताका ह्या खटल्यांत फुडें कसलीच कायदेशीर कारवाय करपाची नाशिल्ल्याचें स्पश्ट केलें.

हो गुन्यांव तडजोडपात्र आशिल्ल्यान आनी दोनूय पक्षांनी आपापसांत उपाय काढिल्ल्यान न्यायालयान दुबावीत प्रवीण गिरमल हाका दोशमुक्त केलो. तशेंच जप्त केल्ली दुचाकी मूळ धनयाच्या सुवादीन दिवपाचे आदेश न्यायालयान दिल्यात.

फोंडेंच्यो सीसीटीव्ही जाल्यांत सोबेच्यो वस्तू

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

फोंडें : फोंडें शारांतले येरादारीचेर नदर दवरचे खातीर बसयल्ली तिसरो दोळो, म्हणल्यास सीसीटीव्ही कॅमेरे बंद अवस्थेंत आसात. विवीध भागांत बरयल्ले सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांची दुरुस्ती वेळच्या वेळार जावंक नाशिल्ल्यान सगले कॅमेरे सध्या सोबेच्यो वस्तू जाल्यात.

एकादो गुन्यांव घडले परांत पुलिसांक म्हत्वाचे धागेदोरे मेळोवपा खातीर सीसीटीव्ही कॅमेरे म्हत्वाचे आसतात. पूण शारांतले सीसीटीव्ही कॅमेरे बंद आशिल्ल्यान पुलिसांक गुन्यांवाचो तपास करचे खातीर खाजगी दुकानांतल्या कॅमेऱ्यांची आदार घेवचो फडटा. ताका लागून शारांत गरजेच्या सुवातांचेर बेगिनात बेगीन सीसीटीव्ही कॅमेरे लावचे आशी मागणी लोकांनी केल्या.

फोंडें शारांत कांय वर्सां आदीं दक्षीण गोंयचे आदले खासदार नरेंद्र सावयकार हांणी खासदार निधींतल्यान वट्ट 22 सीसीटीव्ही कॅमेरे बसयल्ले. सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांची देखभाल करपाची जापसालदारकी एके खाजगी एजन्सीक दिल्ली. पूण ते एजन्सी कडल्यान सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांची देखभाल वेवस्थीत जावंक नाशिल्ल्यान सगले सीसीटीव्ही कॅमेरे सोबेच्या वस्तू जाल्यांत.

शारांतले येरादारीचेर लक्ष दवरचे खातीर सीसीटीव्ही कॅमेरे फायद्याचे थारलेले. येरादारी नेम मोडपी वाहन चालकांक सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांचे मजतीन तांलांव दितातो. मात सगले कॅमेरे बंद पडिल्ल्यान पुलिसांक रस्त्याचेर राबून दंडातमक कारवाय करची पडटा.

रवी नायक भायर पडिल्ल्यान सध्या मतदारसंघ आमदारा बगर चलता. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्वता मतदारसंघाचेर लक्ष दितले अशें तांणी सांगिलें. पूण सीसीटीव्ही लावपा संबंदांत अजून मेरेन कसलीच हालचाल जाल्ली दिसना.

शारांत प्रवेश करपी दोरेके गाडयेचेर नदर दवरपा खातीर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसोवप गरजेचें आसा. कुर्टी, बायथखोल आनी फर्मागुडी जंक्शना लागसार नदर दवरपाक सीसीटीव्हींची

गरज आसा. सरकारान हे संबंदींत निर्णय घेवन बेगीन सीसीटीव्ही बसोवपाची गरज आसा, अशें ॲड. रामदार तेमयेंकार हांणी सांगलें.

पंजाब नैशनल बैंक .....भरोसे का प्रतीक (A GOVERMENT OF INDIA UNDERTAKING) pnb punjab national bank ....the name you can Bank upon!

एआरएमबी पूर्व दिल्ली: पॉकेट-ई, मयूर विहार फेज-II, दिल्ली - 110091
ई-मेल: cs8075@pnb.bank.in, फोन: 011-22779758, 22785289

स्थावर मालमत्तांचे विक्री खातीर विक्री कळोवणी

स्थावर मालमत्तांचे विक्री खातीर ई-पावणी विक्री कळोवणी - 'सिक्युरिटायझेशन ॲण्ड रिकन्स्ट्रक्शन ऑफ फायनान्शीयल ॲसेट्स ॲण्ड एन्फोर्समेंण्ट ऑफ सिक्युरिटी इंटरेस्ट ॲक्ट, 2002 आनी सिक्युरिटी इंटरेस्ट (एन्फोर्समेंट) रुल्स, 2002च्या नेम 8 (6) चे तरतुदी प्रमाण वाचचे. सर्वसामान्य भौसाक आनी विशेशत: रिणकार आनी हमिदार हांका हे वर्सांचें कळीत करता की, सॅक्युअर्ड क्रेडिटरा कडेन घाणाक दवरिल्ली सकयल वर्णन केल्ली स्थावर मालमत्ता, जिचो प्रत्यक्ष/सांकेतीक/प्रतिकात्मक ताबो बँकेच्या/सॅक्युअर्ड क्रेडिटराच्या प्राधिकृत अधिकाऱ्यांनी घेतला, ती संबंदीत रिणकार आनी हमिदार हांचे कडल्यान बँकेक/सॅक्युअर्ड क्रेडिटराक येवपाक आशिल्ले रकमेचे वसुली खातीर सकयल्या तकट्यांत नमूद केल्ले तारखेक "जशें आसा जंय आसां", "जशें आसा जशें कितें आसा" आनी "जे कितें आसा थंय आसा" ह्या तत्वाचेर विक्री करतले. राखीव मोल आनी ईएमडी संबंदीत मालमत्तांच्या मुखार सकयल्या तकट्यांत नमूद केल्ल्या प्रमाण आसतलें.

सुरक्षीत मालमत्तांचें वेळापत्रक

लॉट क्र.	फांटाचें नांव / खातचें नांव / रिणकार/हमिदार हांच्या खातचें नांव आनी पत्ते	सारफेसी कायदा 2002च्या कलम 13(2) अंतर्गत मागणी नोटीशीची तारीख / मागणी नोटीशीतली रक्कम / सारफेसी कायदा 2002 च्या कलम 13(4) अंतर्गत ताबो घेतिल्ल्याची तारीख / ताब्याचा प्रकार: सांकेतीक/प्रत्यक्ष/प्रतिकात्मक	घाणाक दवरिल्ले स्थावर मालमत्तेचे वर्णन / धनयाचें नांव (मालमत्ता घाणाक दवरपी)	राखीव मोल / ईएमडी (ईएमडी जमा करपाची निमाणी तारीख) / बोली वाडीची रक्कम	ई-पावणेची तारीख/वेळ	सॅक्युअर्ड क्रेडिटराक खबर आशिल्लें वजें/ दायित्वाचो तपशील / प्राधिकृत अधिकाऱ्याचें नांव आनी संपर्क क्र
1	**मेसर्स लॉरण्ट आनी बेर्नान मॅनेजमॅण्ट कन्सल्टंट्स लिमिटेड (रिणकार)** **शाखा कार्यालय: गुरुग्राम रोड (012000)** **तशेंच हांगा:** 1ला माळो, जय सिंग यादव कॉम्प्लेक्स, गल्ली नं-03, मुख्य कपासहेरा मार्ग, पोलीस स्टेशना लागसार, नवी दिल्ली-110037. **पत्तो:** ऑफिस एम-3/53, सकयली तळ मजली, डीएलएफ फेज-2, गुडगांव, हरयाणा- 122002 **तशेंच हांगा:** व्होई कॉनक्सी वा पेक्वेनो कॉनक्सी ही मालमत्ता, जी मुंडवेल, वाडूं, वास्को द गामा, गोंय हांगा स्थीत आसून मॅट्रिझ नं. 321 अंतर्गत नोंदणीकृत आसा आनी कंझर्व्हेटोरिया डो रजिस्ट्रो प्रेडिअल हातूंत तिचें वर्णन केलें ना, वास्को, गोंयच्या पी.टी. शीट नं. 63च्या चालता न 23 अंतर्गत जिचें सर्वेक्षण केलां. **तशेंच हांगा:** 824 उद्योग विहार फेज-5, गुडगांव-122016 **तशेंच हांगा:** प्लॉट नं. 25, उद्योग विहार, गुडगांव-122016. **पत्तो:** फ्लॅट नं. 17ए, (वा 174) रसिना रेसिडेन्सी, सेक्टर-59, गुडगांव, हरयाणा-122001 **श्री. विनीत कुमार स्याल हो, श्री. विजय कुमार स्याल हांचो पूत (संचालक)** **तशेंच हांगा:** 5110, डीएलएफ फेज 4, गुडगांव, हरयाणा-122015 **तशेंच हांगा:** 1ला माळो, जय सिंग यादव कॉम्प्लेक्स, गल्ली नं-03, मुख्य कपासहेरा रोड, पुलीस स्टेशना लागसार, नवी दिल्ली-110037 श्री. अमित कुमार स्याल हो, श्री. विजय कुमार स्याल हांचो पूत (संचालक). **तशेंच हांगा:** व्होई कॉनक्सी वा पेक्वेनो कॉनक्सी ही मालमत्ता, जी मुंडवेल, वाडूं, वास्को द गामा, गोंय हांगा स्थीत आसून मॅट्रिझ नं. 321 खाला नोंदणीकृत आसा आनी कंझर्व्हेटोरिया डो रजिस्ट्रो प्रेडिअलांत जिचें वर्णन केलें ना, वास्को, गोंयच्या पी.टी. शीट नं. 63च्या चालता न. 23 खाला जिचें सर्वेक्षण केलां. **तशेंच हांगा:** 1ला माळो, जय सिंग यादव कॉम्प्लेक्स, गल्ली नं-03, मुख्य कपासहेरा रोड, पुलीस स्टेशना लागसार, नवी दिल्ली-110037. **पत्तो:** फ्लॅट नं. 17ए, (वा 174) रसिना रेसिडेन्सी, सेक्टर-59, गुडगांव, हरयाणा-122001. **तशेंच हांगा:** 5110, डीएलएफ फेज 4, गुडगांव, हरयाणा-122015. **पत्तो:** 824 उद्योग विहार फेज-5, गुडगांव-122016. **तशेंच येथे:** व्होई कॉनक्सी वा पेक्वेनो कॉनक्सी ही मालमत्ता, जी मुंडवेल, वाडूं, वास्को द गामा, गोंय हांगा स्थीत आसून मॅट्रिझ नं. 321अंतर्गत नोंदणीकृत आसा आनी कंझर्व्हेटोरिया डो रजिस्ट्रो प्रेडिअलांत जिचें वर्णन केलें ना, वास्को, गोंयच्या पी.टी. शीट नं. 63च्या चालता नं. 23 अंतर्गत जिचें सर्वेक्षण केलां.	14.10.2024 (रु. 9,47,45,603.74) पूर्ण आनी निमाण्या फेंटोचे तारखे मेरेन फुडलें कर्जेत्र, हेर शुल्क आनी खर्च 22.01.2025 सांकेतीक	**घाणाक दवरिल्ले स्थावर मालमत्तेचे सविस्तर वर्णन:** **व्होई कॉनक्सी वा पेक्वेनो कॉनक्सी ही मालमत्ता, जी मुंडवेल, वाडूं, वास्को द गामा, गोंय हांगा स्थित असून जिचें वट्ट क्षेत्रफळ 2167 चौ.मि. आसा, मॅट्रिझ नं. 321 खाला नोंदणीकृत आसा आनी कंझर्व्हेटोरिया डो रजिस्ट्रो प्रेडिअल हातूंत जिचें वर्णन केलें ना, वास्को, गोंयच्या पी.टी. शीट नं. 63च्या चालता नं. 23 खाला जिचें सर्वेक्षण केलां.** **शिमो:** **उत्तरेक: फ्रान्सिस झेवियर रोझारिओ हांच्या वारसांची मालमत्ता (चालता नं. 24, पी.टी. शीट नं. 43)** **दक्षिणेक: अरावजो हांच्या वारसांची मालमत्ता (चालता नं. 21, पी.टी. शीट नं. 63)** **पूर्वेक: प्रस्तावीत 10.00 मिटर रुंद रस्तो** **पश्चिमेक: आयएनएस गोमंतकची मालकीची दोंगुल्ली** **मालमत्ता मालकाचे नांव: श्री. विनीत कुमार सायाल.**	रु. 288.00 लाख रु. 28.80 लाख (07.08.2026) रु. 50,000/-	07.08.2026 सकाळीं 11.00 ते सांजेच्या 04.00 वरां मेरेन.	**खबर ना** **श्री. सुभाष चंद्र जाटव** **(मोबायल क्र. 9121866087)** **अधिकृत अधिकारी** **एआरएमबी पूर्व दिल्ली**

नेम आनी अटी : सदर विक्री ही 'सिक्युरिटी इंटरेस्ट (एन्फोर्समेंट) रुल्स, 2002' हातूंत विहीत केल्ल्यो अटी आनी शर्तीच्या आनी सकयल दिल्ल्या अतिरिक्त अटींच्या अधीन आसतल्यो. 1. मालमत्तांची विक्री "जशें आसा जंय आसा ते स्थितींत" "जे स्थितींत आसा ते स्थितींत" आनी "जे कितें उपलब्ध आसा त्या प्रमाण" ह्या तत्त्वाचेर करतले. 2. वयल्या वेळापत्रकांत नमूद केल्ले सुरक्षीत मालमत्तेचो तपशील अधिकृत अधिकाऱ्यांचे म्हायती प्रमाण सर्वोत्तमपणान सांगला, पूण ह्या उद्देशेणेंतले खंयचेय त्रुटीक, चुकीचें विधान वा वगळ्यिल्ले म्हायती खातीर अधिकृत अधिकारी जापसालदार आसचो ना. 3. विक्री ही स्वाक्षरीकर्त्यी द्वारा ऑनलायन पद्धतीन, https://baanknet.com हे वॅबसायटीचे उपलब्ध करून दिल्ले ई-पावणी प्लॅटफॉर्म वयलें करतले. 4. विक्री विशी अदीक तपशिला खातीर, अटी आनी शर्ती खातीर उपकार करून https://baanknet.com आनी www.pnb.bank.in हाचो संदर्भ घेवचो. 5. सगले वैधानीक पेमेंट/अनुशंगीक शुल्क/हेर पेमेंट जातूंत नोंदणी शुल्क, मुद्रांक शुल्क, कर/खंयच्याय प्राधिकरणाचें शुल्क आदींचो आस्पाव आसा. 6 खेरदीदारकूच करचे पडटले. बँकेक म्हायती नाशिल्ल्या शासनाच्या वा हेर खंयचेय मालमत्ते वयलो (ई- पावणी केल्ल्या) खंयच्याय शुल्का खातीर, वन्या खातीर आनी हेर खंयच्याय पेमेंटा खातीर अधिकृत अधिकारी वा बँक जबाबदार आसची ना. इत्यूक बोलिदाराक सल्लो दिता की तांणी मालमत्ते वयलें वजें, वैधानीक दायित्वे, मालमत्ता कराची थकबाकी, विजेची थकबाकी आदीं बाबतींत स्वत: स्वतंत्रपणान चवकशी करची.

सारफेसी एक्ट, 2002 च्या नेम 8(6) खाला वैधानीक विक्री कळोवणी

तारीख: 20.07.2026 **सुवात: नवी दिल्ली** **अधिकृत अधिकारी, पंजाब नॅशनल बँक**